०७-११-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत 'वंदे मातरम' ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान वर्षभर चलपी यादीस्तीक कार्यावळींचे उक्तावण करतले.

बिहार वेचणूकेच्या दुस-या पावंड्यावेलो प्रचार पावलो तेंगशेर, काल पयल्या पावंड्यार जाले विक्रमी ६४.६६ टक्के मतदान.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी शेनवारा वाराणसीक भेट दितले आनी चार नव्या वंदे भारत एक्सप्रेस गाडयांक पांचवो बावटो दाखयतले.

भारतीय सिक्युरिटीज अँड एक्सचेंज बोर्डान (सेबी) मुखेल सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्मांक आनी इंटरनॅट सर्च इंजिन पुरवणदारांक फटीच्या गुंतवणूक कार्यावळीं आड सुरक्षा घटमूट करपाक सांगलां.

गोंयात चलतल्या FIDE बुद्धिबळ संवसारीक कप २०२५ सर्तीत, तिसऱ्या फेरीयेत सुवात मेळोवपाखातीर आयज आठ भारतीय खेळगडे दुसऱ्या फेरीयेच्या टायब्रेकात खेळतले.

PM VANDE MATARAM -१७0

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत ‘वंदे मातरम’ ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान वर्षभर चलपी यादीस्तीक कार्यावळींचे उक्तावण करतले. संस्कृतीक मंत्रालय हो सुवाळो घडोवन हाडटा.

हो दिस दरेका भारतीयांखातीर एक महत्त्वाचा खीण आसा अशें सोशल मीडिया पोस्टात प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हळां. वंदे मातरम् हे एक प्रेरणादायी आवाहन आसा आनी हे गीत सगळ्या पिळग्यांखातीर प्रेरणा दिवपी आसा अशेंय तांणी म्हळे. ह्या गीतान पूराय देशभरात,  देशभक्तीची भावनाय जागृत केल्या अशेंय तांणी सांगले.

ह्या कार्यावळीत भौशिक सुवातेर "वंदे मातरम्"च्या पूराय आवृत्तीचे सामूहिक गायन आसतले,तातूंत समाजातले सगळ्या घटक पूराय उमेदीन वाटो घेतले. वंदे मातरम् हे गीत बंकिमचंद्र चॅटर्जी हांणी ७ नोव्हेंबर १८७५क अक्षय नवमी दिसा रचील्ले. ते पयली तांच्या आनंदमठ ह्या कादंबरीचो एक भाग म्हूण बंगदर्शन ह्या साहित्यिक मासिकात प्रकाशित जाले. मातृभूयेक शक्ती, समृद्धी आनी दिव्यतेचे प्रतीक म्हूण आवाहन करून, हे गीत भारताच्या एकता आनी राष्ट्रीय अभिमानाचे तीगून उरपी प्रतीक जाले.

केंद्रीय मंत्रीमंडळान फाटल्या म्हयन्याच्या 1 तारखेक राष्ट्रीय गीताक 150 वर्सां पुराय जाल्ल्या खातीर देशभरांत उत्सव मनोवपाक मान्यताय दिलली. तशेंच लघु डॉक्युमेंटरी फिल्माचें प्रदर्शन जातलें. प्रधानमंत्री हे निमतान यादस्तीक तिकीट आनी नाणे जारी करतले.

बिहार वेचणूक - १६०

बिहार वेचणूकेच्या पयल्या पावंड्यार काल शांतीकायेन मतदान जाले. बिहार विधानसभेच्या पयल्या पावंड्यात विक्रमी ६४.६६ टक्के इतले मतदान जाले. १,३१४ उमेदवारांचो फुडार आता ईव्हीएमात सील जाला. ह्या पावंड्यार मुखेल दावेदारांमदी भाजप फुडारी आनी उपमुखेलमंत्री सम्राट चौधरी आनी विजय कुमार सिन्हा, नितीश कुमार हांच्या मंत्रिमंडळातले १६ मंत्री आनी राजद फुडारी आनी महाआघाडीचे मुखेलमंत्रीपदाचे उमेदवार तेजस्वी प्रसाद यादव हांचो आस्पाव आसा. कांय तुरळक

घडणूको सोडल्यार, मतदान शांतीकायेन पार पडले. लखीसराय जिल्ह्यातील एका मतदान केंद्रालागसर कांय हल्लेखोरांनी उपमुखेलमंत्री आनी भाजप उमेदवार विजय कुमार सिन्हा हांच्या ताफ्याचेर हल्लो केलो. वेचणूक आयोगान ही घडणूकना गांभीर्यान घेतल्या आनी संबंधितांचेर कठोर कारवाई करपाचे निर्देश पोलिस महासंचालक विनय कुमार हांका दिल्यात. वेचणूक आयोगाच्या आंतरराष्ट्रीय वेचणूक अभ्यास कार्यावळीखाला, स देशांच्या प्रतिनिधींनी पाटणा, मुझफ्फरपूर, वैशाली आनी नालंदा मतदारसंघांक भेट दिली. तांणी मतदान प्रक्रियेचे निरीक्षण केले आनी मुक्त, निष्पक्ष आनी पारदर्शक वेचणूको सुनिश्चित सुनिश्चीत करपा खातीर वेंचणूक आयोगान केल्ल्या यत्नांची तोखणाय केली. इतले मजगती, बिहार विधानसभेच्या दुस-या पावंड्यावेलो प्रचार लेगित नेटान सुरु आसा. ह्या दुस-या पावंड्याखातीर ११ नोव्हेंबराक मतदान जातले. मतमेजणी १४ नोव्हेंबराक जातली.

PM Conference legal – 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी शेनवारा नवी दिल्लींत कायदेशीर मजत दिवपाची यंत्रणा घटमूट करपा विशींचे राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले. एका निवेदना प्रमाण प्रधानमंत्री, राष्ट्रीय विधी सेवा प्राधिकरणाने (एनएएलएसए) तयार केलल्या कम्युनिटी मेडीएशन ट्रेनिंग मोड्यूलची सुरवातकरतले आनी ह्या मेळाव्याक संबोधीत करतले.दोन दिसांच्या परिशदेंत कायदेविषयक मदत बचाव सल्लागार प्रणाली, पॅनेल वकील, निम-कायदेशीर स्वयंसेवक, स्थायी लोक अदालती तसेच कायदेविषयक सेवा दिवपी संस्थांच्या वित्तीय व्यवस्थापनासारख्या कायदेविषयक सेवा चौकटीच्या महत्त्वाच्या पैलूंबाबत विचारविनिमय जातलो.

PM Varanasi – 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी शेनवारा वाराणसीक भेट दितले आनी चार नव्या वंदे भारत एक्सप्रेस गाडयांक पांचवो बावटो दाखयतले. नव्यो वंदे भारत एक्सप्रेस गाडयो बनारस-खजुराहो, लखनौ-सहारनपूर, फिरोजपूर-दिल्ली, आनी एर्नाकुलम-बेंगळुरू मार्गांचेर चलतल्यो. ह्या गाडयांक लागून प्रवास वेळ उणो जातलो, आनी प्रादेशिक

गतिशीलता वाडटली, पर्यटनाक चालना मेळतली, आनी देशभरांतल्या अर्थीक कार्यावळींक आदार जातलो.

सेबी - ६०

भारतीय सिक्युरिटीज अँड एक्सचेंज बोर्डान (सेबी) मुखेल सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्मांक आनी इंटरनॅट सर्च इंजिन पुरवणदारांक फटीच्या गुंतवणूक कार्यावळीं आड सुरक्षा घटमूट करपाक सांगलां.

फकत सेबीन नोंदणीकृत संस्थांक गुंतवणूक उत्पादना आनी सेवांचो प्रचार करपाक मेळचे हे खातीर सेबीन ह्या प्लॅटफॉर्मांचेर जायरातदारांचें सक्तीची पडताळणी करपाची विनंती केल्या.

गुंतवणूकदारांक फटीचे ॲप्लिकेशनां टाळपाक मजत करपा खातीर नोंदणीकृत मध्यस्थां खातीर वेगळी पडताळणी प्रक्रिया सुरू करपाची शिफारस नियंत्रकान केल्या.

Chauhan Mah – 100

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आज महाराष्ट्राच्या छत्रपती संभाजीनगर जिल्हो आनी भोंवतणच्या गांवगिऱ्या वाठारांच्या एका दिसाच्या भोंवडेर वतले. मंत्री शेतकी आनी ग्रामीण उदरगत येवजण्यो चालीक लावपाचो नियाळ घेतले अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां. हे भेटी वेळार श्री चौहान थळाव्या शेतकारां कडेन संवाद सादतले आनी हुंवारान त्रास जाल्ल्या वाठारां विशीं म्हायती घेतले.केंद्रीय शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री ह्या भेटी वेळार शेतकार आनी गांवगिऱ्या वाठारांतल्या लोकां कडेन संवाद सादून कल्याणकारी येवजण्यांची प्रभावी अंमलबजावणी करपाचो नियाळ घेतले आनी तांच्या हुस्क्याचेर उपाय काडटले. चौहान अरणपूर गांवाक भेट दिवन हुंवाराक लागून इबाडिल्ल्या रस्त्याच्या पुलाची पळोवणी करतले आनी भोंवतणच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो नियाळ घेतले.

INS – 70

भारतीय नौदलाचें नवें सर्वेक्षण जहाज इक्षक काल कोच्ची नौदल तळाचेर जाल्ल्या सुवाळ्यांत औपचारीकपणान सेवेंत दाखल जालें. ह्या जहाजाक लागून नौदलाची देशी क्षमता वाडटली. नौदल प्रमुख ॲडमिरल दिनेश के. त्रिपाठी हाणी कार्यावळीची अध्यक्षता केली. कोलकाता हांगाच्या गार्डन रीच शिपबिल्डर्स आनी इंजिनियरांनी बांदिल्लें इक्षक जहाज सरकाराच्या आत्मनिर्भर भारत उपक्रमाचें व्हड यश आसा. ताच्या बांदकामांत ८० टक्क्यांपरस चड स्वदेशी साहित्याचो उपेग जालो. दक्षिण नौदल कमांडांत तैनात जाल्लें हें आपल्या वर्गाचें पयलें जहाज.

IMD – 50

हवामान खात्यान आज तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकालांत काय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडटलो असो अदमास उक्तायला. तशेंच आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, आनी दक्षिण कर्नाटकांतल्या काय सुवातींनी गडगडपा वांगडा हलको पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें खात्यान सांगलां. फुडल्या 48 वरांत मध्य भारतांत उण्यांत उणें तापमान दोन ते चार अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

FIDE बुद्धिबळ - ६०

गोंयात चलतल्या FIDE बुद्धिबळ संवसारीक कप २०२५ सर्तीत, तिसऱ्या फेरीयेत सुवात मेळोवपाखातीर आयज आठ भारतीय खेळगडे दुसऱ्या फेरीयेच्या टायब्रेकात खेळतले. आर. प्रज्ञानंद, विदित गुजराती, निहाल सरीन, प्रणव व्ही, एस.एल. नारायणन, कार्तिकेयन मुरली, प्रणेश एम आनी रौनक साधवानी. डी. गुकेश, अर्जुन एरिगैसी, पेंटाला हरिकृष्ण, दिप्तयन घोष आनी कार्तिक वेंकटरमन ह्या खेळगड्यांचो हातूंत आस्पाव आसा. आपल्या क्लासिकल खेळांनी जैत मेळोवन तांणी तिसऱ्या फेरीयेत पावल घाला.

गोंयात 30 ऑक्टोबर ते 27 नोव्हेंबर मेरेन फिडे विश्वचषक 2025

सरत सुरु आसा जातुत संवसारांतले नामनेचे खेळगडे वाटेकार

जालयात. हो खेळ पळोवपाक सगळ्या खातीर उक्तो आसा. तिकटा विशीची माहिती WORLDCUP2025.FIDE.COM चेर आसा. खेळा मोग्यांनी हाचो मुजरत लाव घेवचो.